# देवाशीं पावयता ती वाट



# देवान आमची प्रिथूम आनी जीव प्राण आसलेलें सगळें रचलां

"आरंभाक देवान सर्ग आनी प्रिथूम रचली." - उत्पत्ती १:१

"सर्गार आनी प्रिथूमेर आसलेलें सगळें ताचे (जेझू) वरवीं रचलां....." - कोलोसकारांक १:१६

"सर्ग आनी प्रिथूम रचणार परमेश्वर तुमचेर आशिर्वाद घालूं. सर्ग परमेश्वराचो; पूण प्रिथूम ताणें मनशाकुळाक दिल्या."
-स्तोत्र ११५ :१५,१६

देवान प्रिथूम मनशाक दिल्ली तेन्ना ती संपूर्ण आसली. कितें - कात घडलें ते विपी म्हायती घेवंक, ही पुस्तिका वाच.

# देवान आमकां रचल्यांत



"उपरांत देवान म्हळें, 'आमच्या रुपकारान आनी आमच्या सारक्याचो मनीस आमी रचूया; सगळे प्रिथूमेर ताका सत्ता आसूंदी......' "

- उत्पत्ती १:२६

# मनीस अेक जिवो प्राणी जालो 

"आनी परमेश्वर देवान भूंयचे धूळींतलो मनीस रचलो आनी ताच्या नाकपुडयांनी जिवीताचो स्वास घातलो, आनी मनीस अेक जिवो (प्राणी)* जालो."

- उत्पत्ती २:७

"आनी परमेश्वर देवान म्हळें, 'दादल्याक अेकसुरो रावप हें सारकें न्हय; हांव ताका अेक सांगाती करतलों.....' आनी परमेश्वर देवान आदमाचेर अेक सुस्त जेम हाडली आनी तो न्हिदलो; आनी ताची अेक बर काडून तो भाग आसलो तसो परत जोडलो. उपरांत बर काडलेली ताची परमेश्वर देवान अस्तरी रचली आनी तिका दादल्याशीं हाडली."

- उत्पत्ती २:१८, २१-२२

*जिवो प्राणी म्हळयार आमी खंय-तरी सासणाक आसतले.

# ४ आदमान आनी अेवेन देवाची आज्ञा मोडली



सैतानाचो ताळो आमी आयकूंक फावना.

“ उपरांत अीडन बागेचो सांबाळ करूंक परमेश्वर देवान मनशाक ५
थंय नेमलो. आनी परमेश्वर देवान मनशाक अशें फरमायलें, ‘बागेंतल्या
सगळयां रूखांचें फळ तुज्यान खावुं येता; पुण ब-या आनी वायटा
विषीं गिन्यान दितल्या रूखाचें फळ तूं खावुं नाका, कारण ज्या दिसा
तूं तें खाशी तूं निश्चीत मरतलो.’ ” - उत्पत्ती २:१५ - १७

सोरोप, जाका देवचार वा सैतान म्हणतात, ताणें देवाच्या अधिकारा विषीं वाद केलो, आनी फट मारली.

“आनी सोरपान अस्तरेक म्हळें, ‘तू खरीच मरचीना.’ तर त्या रूखाचें फळ खावुंक बरें, दिसुंकूय बरें आनी जे वरवीं मनशाक बुदवंत जांव येता म्हूण बायलेन पळेलें तेन्ना, तिणे तें काडलें...... आनी खाले. तिणें आपल्या पतिकूय दिलें.... आनी ताणेय खालें.”

- उत्पत्ती ३:४,६

## ६ आदम आनी अेव बागेंत आनीक रावूंक शकलिनांत



"........... जे जमिनींतलो ताका रचलोलो तेच जमनीची कामावीस करूंक परमेश्वर देवान ताका बागेंतलो भायर घालो ....... जिवीताच्या रूखाशीं पावयता ती वाट राखूंक, ताणे ........ अेक देवदुत दवरलो..... आनी अेक भगभगीत तरसाद दवरली."

- उत्पत्ती ३:२३,२४

# आदमान आनी अेवेन पातक आधारलें तेन्ना मनशाकुळाक तो अेक दुखेस्त दीस वरतलो



"अेका मनशा वरवीं पातक संवसारांत आयलें, आनी पातका वरवीं मरण, अशें मरण सगळया मनशाकुळाचेर आयलें........ "

- रोमकारांक ५:१२

## उगडास धरुंक

दर अेक मनीस पातकी सैमान जल्मता, आनी अेक दीस मरतलो कित्याक मरण पातका उदेशीं आयलें. (रोमकारांक ५:१२ नव्यान वाच.)

## ८ आमकां पातकांतलीं सोडोवंक आपल्या अेकल्याच पुताक पाठवंक देवाची येवजण वरतली



"आनी ती अेक पूत प्रसूट जातली आनी तूं ताका जेझू हें नांव दवरतलो, कित्याक तो आपले प्रजेक तांच्या पातकांतली सोडयतलो."

- मातेव १:२१

मनशाकुळांत येंवच्याक देवाच्या पुताक मनशा-बाळक जावन येंवचो पडलो.

"तर ताचे (क्रिस्त जेझू) थांय देवपणाची पूर्ण भरती कुडीच्या रूपान वसती करता."

- कोलासकारांक २:९

# मनशा रुपान- जेझू देव जावन आसा 

"आरंभाक शब्द आसलो, आनी शब्द देवा सवें आसलो, आनी शब्द देव जावन आसलो....... आनी शब्द मनीस जालो आनी आमचे मदें जियेलो ......."

- जुआंव १:१,१४

" ही भाकणी पाळून येंवचे खातीर हें सगट घडलें ....: 'पळे, अेक आंकवार गर्बेस्त जातली आनी ती अेक पूत प्रसूट जातली आनी ते ताका 'अेमानयुअेल' नांव दवरतले; जाचो अर्थ 'देव आमचे थांय.'"

- मातेव १:२२,२३

"आमचे सरीं अेक बाळक जल्मला, आमकां अेक पूत दिला; आनी राजकारभार ताचेर थारतलो. आनी ताका अजापवंत, बुद्द दिवपी, शक्तीवंत देव, सासणीक बाप, शांतीचो कुंवर म्हणटले."

- अिजायस ९:६

# जेझू क्रिस्त - आमची संपूर्ण बळी

"........ जो पातक नकळो आसलो....... " - २ कोरिंतकारांक ५:२१



"जाणे पातक आधारलेंना......" - १ पेद्रू २:२२

पातक काडून उडोवंक मनशान केल्लो खंयचोच यज्ञ (भेट) संपूर्ण नासलो.

"तर पाडयांचें आनी बोकडयांचें रगत पातकां काडून उडोवंक शकना."

- हेब्रेवांक १०:४

जेझू देवाचो मेंढरो. "पळे! देवाचो मेंढरो, संवसाराचें पाप काडटा तो!"

- जुआंव १:२९ (दुसरो भाग)

## आमकां तारण दिवंच्याक जेझून आपलो प्राण दिलो 

खटया मनशांनी ताचो व्देस केलो देखून जेझूक लाकडाच्या खूरसार खिळायलो. पुण ताचें मरण देवाची येवजण वरतली. तुका आनी म्हाका आमच्या पातकांतली सोडवंक जेझून आप-खुशेन आपलो प्राण दिलो.

जेझून म्हळें, "कोणूच तो (म्हजो प्राण) म्हजे लागच्यान काडीना, पुण तो हांव म्हजेच खुशेन दितां. प्राण दिवंक आनी तो परत घेवंक म्हाका पदवी आसा........"
- जुआंव १०:१८

## देवाच्या मेंढ-याच्या रगता वरवीं आमकां सोडयल्यांत


"...... भांगरा वा रूप्या सारकेल्या विनाशी वस्तू वरवीं न्हय, ... पुण खत आनी दाग नासलेल्या मेंढ-या परीं क्रिस्ताच्या अमोलीक रगता वरवीं तुमची सोडवण केल्या."
१ पेद्रू १:१८,१९

## दुसरो खंयचोच यज्ञ पातक काडून उडोवंक शकना

"..... जेझू क्रिस्ताच्या अेकेच फावटी केल्ल्या कुडीच्या बलिदाना वरवीं आमकां संवस्कारल्यांत."
- हेब्रेवांक १०:१०

१२ "…. आतां ताच्या रगता वरवीं आमकां नितीवंत थारायल्यांत म्हणटच ताचे वरवीं आमी क्रोधांतलीं वाटवतलीं." - रोमकारांक ५:९

"तूं तुज्या राज्यांत येता तेन्ना, धनया म्हजो उगडास कर."



हया चोरान जेझूचेर भावार्थ दवरलो आनी ताचें तारण जालें.

"… हांव तुका खरेंच सांगतां, आयज तूं म्हजे बरोबर वैकुंटांत आसतलो." - लुकास २३:४३

हया चोरान जेझूचेर भावार्थ दवरूंक ना. देखून ताचें तारण जालें ना.

"….. आमी पातकी (देवाच्यो आज्ञा मोडल्यात) आसल्यांव तेन्ना क्रिस्त आमचे पासत मेलो." - रोमकारांक ५:८

# देवाच्या पुताचेर विस्वास दवरतल्या समेस्तांक जिवीत मेळटा

"कित्याक देवान संवसाराचो अितलो मोग केलो की ताणें आपल्या अेकल्याच पुताक ओपून दिलो, ताचेर विस्वास दवरता ताचो नाश जायनां जांवच्याक, पुण ताका सासणीक जिवीत मेळच्याक." - जुआंव ३:१६

"ताणें आमकां काळोकाचे पदवेंतलीं सोडयल्यांत आनी आपल्या मोगाळ पुताच्या राज्यांत उत्रायल्यांत, जाचे सर्वे आमकां ताच्या रगता वरवीं *सोडवण आनी पातकांचें भगसणे आसां."

- कोलोसकारांक १:१३,१४

*सोडवण म्हणगे आमकां विकतीं घेवन परत हाडलीं.

# "तो जिवंत जाला। "



"पूण देवदुतान अस्त-यांक प्रतिपाक करून म्हळें, 'भियूं नाकात, खुरसार खिळायल्ल्या जेझूक तुमी सोदतात म्हूण हांव जाणां. तो हांगा ना; कित्याक ताणे सांगलेल्या प्रमाणे तो जिवंत जाला. ताका निखिपिल्लो ती सुवात येवन पळेयात.' "

- मातेव २८:५,६

# जेझू मेल्ल्यांतलो नव्यान जिवंत जालो 

"हांव मेल्लों, पूण हांव जियेतां आनी पळे, हांव सासणाक जिवो आसां. आमेन. यमकोंडाच्यो आनी मरणाच्यो चावयो म्हजे लागीं आसात."

- प्रकासणी १:१८

".... हांव जियेतां देखून तुमीय जियेतले." -जुआंव १४:१९

क्रिस्तान मरणाचेर जैत केलें, आनी मरणाच्यो चावयो ताचे लागीं आसात देखून आमी मरणाक आनीक भियूंची गरज नां.

"हांव भियेतां तेन्ना, तुजेर हांव विस्वासतलो." - स्तोत्र ५६:३

(देवाच्यो भासावण्यो ४६व्या पानार पळे)

**जेझूच्यान तुका तारण दिंव येता आनी तो तूजे पासत प्रार्थना करता**

"पूण तो सासणाक जियेता देखून ....... ताचे वरवीं देवाशीं येतात तितल्यांकूय तो शेवट पर्यान (संपूर्ण ) तारण दिंवक शकता, कित्याक तांचे पासत विनंती करूंक तो सासणाक जियेता." - हेब्रेवांक ७:२४,२५

१६ तुज्यान आनी म्हज्यान सासणिक जिवीत मेळून घेंव येता




तू खंयचो म्हूण रस्तो धरता ?

जेझू क्रिस्त देवा थांय मेळटल्या सासणाच्या जिवीताची वाट वरतता.

देवचार (सैतान) सासणाच्या मरणाची वाट वरतता.

सासणाच्या जिवीताक पावयता ती वाट हो भुरगो विंचून काडटा.

"...... तुमी कोणाची सेवा करतले तें आयज विंचून काडात......."

- जोझूये २४:१५

"...... त्या पासत तूं आनी तुजे संस्तीक जिवीत मेळचे खातीर, जिवीत विंचूत काड."

- दुसरी समूर्त ३०:१९

## जेझू सासणाच्या जिवीताची वाट

"आनींक कोणाचेच सर्वे तारण ना, कित्याक मनशाचें तारण जांवच्याक मळ्बा तळा मनशां थांय दिल्लें आनींक नांव ना."

- प्रेषितांचीं करतुत्वां ४:१२


"हांव, हय हांव तो परमेश्वर, आनी म्हजे बगर आनीक दुसरो तारक ना."

- भिजायस ४३:११

## १८ सासणीक जिवीत जाय जाल्यार आमी जेझूक कित्याक विंचून काडूंक जाय ?

१. क्रिस्त आयलो.

"...... तांकां जिवीत मेळच्याक हांव आयलां...." - जुआंव १०:१०



२. किस्तान की आमचो मोग केलो आनी तो आमचे पासत मेलो.

"...... देवाच्या पूतान .... म्हजो मोग केलो आनी म्हजे पासत ताणें आपलो प्राण दिलो."

- गालासियेकारांक २:२०

"मरणा वरवीं मरणाचेर पदवी चलयता ताचो, म्हणगे, देवचाराचो, भस्म करचे


खातीर, आनी मरणांचे भिरांतीन सगळ्या आपल्या जिवीतांत बांदपासांत सापडलेल्यां समेस्तांक सुटका दिवच्याक" जेझू आमचे परी रगता-मासाचो मनीस जालो. - हेब्रेवांक २:१४,१५

३. आमच्या पातकांक अेकूच उपाय म्हळयार जेझूचें रगत.

"...... रगत मनशा पासत फारिकपण (भगसणे) दिता."
- लेव्ही शास्त्र १७ :११

"..... ताच्या पुताचें - जेझू क्रिस्ताचें - रगत सगळ्या पातकांतलीं आमकां शुध्द - नितळ करता. " - १ जुआंव १:७

"जाचे सवें ताच्या रगता वरवीं आमकां सोडवण (तारण), पातकांचें भगसणें आसा." - कोलोसकारांक १:१४



### ४.क्रिस्त की मेल्ल्यांतलो जिवंत जालो.

"जाणा जावन क्रिस्त मेल्ल्यांतलो जिवंत जालो देखून तो आनींक मरनां. मरणाक आनींक ताचेर सत्ता (राज-पदवी) नां." - रोमकारांक ६:९

"आनी तो सगळ्यां खातीर मेलो, की जियेतात तीं आनींक आपणा पासत जियेंवच्याक न्हय, बगर ताचे खातीर, जो तांचे खातीर मेलो आनी पुनरजिवंत जालो."

\- २ कोरिंतकारांक ५:१५

जेझून म्हळें, "...... हांव जियेतां देखून, तुमीय जियेतले."

\- जुआंव १४ : १९

५. सासणीक जिवीताक उतरच्याक, नव्यान जिवंत जावंच्याक (सासणाक जियेंवच्याक) आमचे थांय क्रिस्ताचो आत्मो आसूंक फावो.

"क्रिस्त तुजे थांय महिमेचो भरवांसो."-कोलोसकारांक १:२७ तिसरो भाग

"पूण जेझूक मेल्ल्यांतलो जिवंत केलो, ताचो आत्मो तुमचे थांय वसती करता जाल्यार, जाणे क्रिस्ताक मेल्ल्यांतलो जिवंत केलो तो, तुमचे थांय वसती करतेल्या ताच्या आत्म्या वरवीं तुमचेय विनाशी (सैमीक) कुडींक जिवीत दितलो." - रोमकारांक ८ :११

## क्रिस्ताचो आत्मो तुजे थांय वसती करता, हाची खातरी कर

"..... जाचे सवें क्रिस्ताचो आत्मो ना, तो ताचो (क्रिस्ताचो) न्हय."
- रोमकारांक ८:९

# सासणीक जिवीत तुका कशें मेळूं येता ?

२४ व्या पानार थावन दिलेल्यो सुचवण्यो पळे.



"अेक भुरगो कसलो तो ताच्या करतुबां वरवीं दाखल जाता......"

-म्हणण्यो (ओपारी) २०:११

"जेझू म्हजो मोग करता म्हूण हांव जाणा, कित्याक पवित्र-शास्त्र म्हाका अशें सांगता."

" पूण जेझून तांकां आपणा सरीं आपयलीं आनी म्हळें, 'सुपुरल्ल्या भुरग्यांक म्हजेशीं येवंदी, आनी तांकां आडवारूं नाकात; कित्याक सर्गिंचें राज असल्यांचेच.' "

- लुकास १८:१६

"तशेंच हया ल्हानांतल्या अेकल्याचो पर्यांन अिबाड जाल्लो (सासणांक सांडलोलो वा नाश जाल्लो) तुमच्या सर्गिंच्या बापाक नाका."

- मातेव १८:१४

तूं कोणूय जांव वा खंयसरूय तूं वसती करूं, जेझू तुजो मोग करता आनी तुझे पासत मेला. जेझू तुजोय मोग आंवडेता. ताच्यो आज्ञा सांबाळून तुजो मोग, तुज्यान ताका दाखंव येता.

" तुमी म्हजो मोग करतात जाल्यार, म्हज्यो आज्ञा सांबाळात."

- जुआंव १४ : १५

## २४ देवाशीं पावयता ती वाट कशी मेळून घेवची

१. तूं पातकी (देवाच्यो आज्ञा सांबाळूंक ना) म्हूण वळखून घे (कबूल कर). "सगळ्यांनी पातक आधारलां, आनी देवाचे महिमे सरशीले कडसरल्यात."

- रोमकारांक ३:२३

२. जेझू क्रिस्ता वरवीं देवाशीं ये.

"कित्याक अेकूच देव आसा आनी देवा आनी मनशां मदेकात अेकूच मदेस्ती आसा, तो मनीस क्रिस्त जेझू."

-१ तिमोताक २:५

"त्या पासत जीं कोण ताचे वरवीं देवाशीं येतात तांकां तो (जेझू) तारण दिवंक शकता..."

- हेब्रेवांक ७:२५

जेझून म्हळे, "...... जो म्हजेशीं येता, ताका हांव केदींच भायरांवचोना."


- जुआंव ६:३७

३. तुज्या पातकांचो पच्छताप कर.

(पच्छताप करप म्हूणगे "पातक सोडून दिवपा सारकी दुःख थरप.")

"तुमची पातकां पुसून काडूंक पच्छताप करात, आनी देवाशीं वळात...." - प्रेषितांचीं करतुत्वां ३:१९

"परमेश्वर ... आमचे सरीं सोसणिकायेचो, कोणाचोच नाश जाल्लो ताका नाका पूण सगळ्यानीं पच्छताप केल्लो ताका जाय." - २ पेद्रू ३:९




४. तुजीं पातकां जेझू हुजीर वळखून घे.

(वळखून घेवप म्हणगे "उचारप वा कबुल करप.")

२६ व्या पानार प्रार्थना करतेल्या हातांचेर आसलेले १ जुआंव १:९ हांतलो श्लोक सकयल आसलेल्या ओळींचेर बरय.

________________________________________

________________________________________

________________________________________

________________________________________

५. तुजीं पातकां सोडून दी.

"आपलीं पातकां थांपता तो केदींच सुखी जांवचोना, पूण आपलीं पातकां देवा हुजीर वळखून घेता आनी तीं सोडून दिता, ताका दया मेळटली."

- म्हणण्यो (ओपारी) २८:१३

"खटेपणा सर्शिले कडसरात आनी देवाक मानवता तेंच करात....."

- स्तोत्र ३७:२७



"कित्याक कृपेन, भावार्था वरवीं तुजें तारण जालां..... हें देवाचें देणें; करण्यां वरवीं न्हय, की अशें कोणेच वडाय करच्याक."

- इफेजकारांक २:८,९

६. जेझू क्रिस्ताचेर विस्वास दवर.

"...... तूझ्या तोंडान जेझू धनी म्हूण तूं उचारशी आनी देवान ताका मेल्ल्यांतलो जिवंत केलो म्हूण तुज्या काळजांत थांवन तूं सतमानशी जाल्यार तुजें तारण जातलें."

- रोमकारांक १०:९

"..... जेझू क्रिस्ताचेर भावार्थ दवर आनी तुजें तारण जातलें, तुजें आनी तुज्या घराब्याचें."

-प्रेपितांची करतुत्वां १६:३१

 ७. जेझू क्रिस्ताक तुज्या काळजांत आनी जिवीतांत स्विकार कर. तुज्या काळजाचें दार तुवेंच उगटें करुं येता, आनी जेझूक भितर



येवंक आमंत्रण दिंव येता. जेझून म्हळें, " पळे, हांव दारा-उंब-यार उबो आसां आनी दारार मारतां. जो म्हजो ताळो आयकून दार उगडता ताचे भितर हांव येतलों आनी ताचे बरोबर हांव जेवतलों, आनी तो म्हजे बरोबर." - प्रकासणी ३:२०

"पूण जाणी ताका स्वीकार केलो तितल्यांय समेस्तांक ताच्या नांवाचेर भावार्थ दवरतल्यांक, ताणे देवाची भुरगीं जावपाक हक्क दिलो." - जुआंव १:१२

जर तुवें केदिंच प्रार्थना करूंक ना, आनी प्रार्थना करूंक तुका आधार जाय, हें प्रार्थना मार्गदर्शक कशें तुज्यान वापरूं येता:



मोगाळ धनया जेझू,

म्हजीं पातकां काडून उडोवंक तूं खुरसार मेलो म्हूण हांव तुका दिनवासतां. हांवें केल्ल्या अगुणी करतुबां पासत हांव माफी मागतां. म्हज्या काळजांत तूं वसती कर म्हूण हांव तुजे लागीं मागतां. म्हजें काळीज तूं नितळ करतलो म्हूण हांव तुजेर विस्वासतां. हांव तुका म्हजो तारक आनी धनी म्हूण मानून घेतां.

आमेन.

# तुज्या काळ्जांत जेझू आसल्यार, तुका सासणीक जिवीत आसतलें

"...... देवान आमकां सासणीक जिवीत दिलां, आनी हें जिवीत ताच्या पुता सवें आसां. जाचे सवें पूत आसा ताचे थांय जिवीत आसां...."

- १ जुआंव ५:११,१२

"........जो म्हजें उतर आयकता आनी म्हाका पाठयला ताचेर भावार्थ दवरता.... तो मरणांतलो जिवीताक उतरलो." - जुआंव ५:२४

तुजी कूड मरता तेन्ना तूं परमेश्वराशीं हाजीर आसता (२ कोरिंतकारांक ५:८).

"....... क्रिस्त तुजे थांय, महिमेचो भरवांसो." - कोलोसकारांक १:२७

तुजीं पातकां भगसूंक जेझू लागीं जर तुवें मागलां, आनी धनी जेझू क्रिस्त तुजो तारक म्हूण तुवें ताचेर भावार्थ दवरला जाल्यार तुजें नांव सकयल बरय:

---



पवित्र-शास्त्रांतले (देवाच्या उतरांतले) श्लोक दिसपट्टी वाच आनी ते पाठ करून तुका उपयोगाचे ते विशिष्ट श्लोक तुज्या काळजांत सांबाळ. (ह्या सुपूरल्या पुस्तकांत साबार आसात.)

"पवित्र-शास्त्र देवाचे स्फुर्ती वरवीं दिलां : आनी तें मूळ-शिकवण (तूं सतमानता तें) दिवंक, चुकी दाकवन दिवंक, सुधारणी दिवंक, प्रमाणिकपणा विशीं आज्ञा करूंक उपकारता."

- २ तिमोताक ३:१६

# ३२ खंयचाय वेळार जेझू लागीं प्रार्थनां करवीं उलय



जिवीतांतल्या सगळ्या ब-या घडीतां पासत ताका दिनवास. ताणें तुज्या जिवीतांत बरें तें केलां देखून ताची वाखाण्णी कर. तुजे कसलेय गरजे पासत तूं ताचे लागीं माग. जेझूचे नांवीं तूं प्रार्थना कर.

"........ताचे खुशे प्रमाणें आमी कितेंय मागत जाल्यार तो आमचें आयकता." -१ जुआंव ५:१४

"......बापा लागीं म्हज्या नांवान कितेंय मागशात तो तुमकां दितलो." - जुआंव १६:२३

"…..अेकामेका पासत प्रार्थना करात….."

-जाकोब ५:१६ (पयलो भाग)

"....... तुमकां अपमान करतल्यां आनी तुमकां धुमाळो दितल्यां खातीर प्रार्थना करात."

- मातेव ५:४४

## जेझून आपल्या शिश्यांक शिकयल्लें मागणें 

(शिश्य म्हणगे जेझूचो पाटलाव करता तो मनीस.)

जेझून हे परीं आपल्या शिश्यांक मागणें करूंक सांगलेः

"आमच्या बापा, तूं सर्गार आसा तुजें नांव व्हड-पवित्र जांव. तुंजें राज आमकां येंव, तुजी खुशी सर्गार जाता तशीच संवसारांत जांव. आमचो दिसपट्टो ग्रास आज आमकां दी. आमचेर पातक करतेल्यांक आमी भगशितात तशें तूं आमचीं पातकां भगस आनी आमकां ताळणेंत पडूंक दीव नाका, पूण अदृश्टांतली आमकां निवारः कित्याक राज आनी पदवी आनी महिमा तुजीच सासणाच्या सासणाक. आमेन."

- मातेव ६:९-१३

हें मागणें पाठ करूंक जाय. भावार्थी जायते फावट सांगातान अेकटांय जावंन हें मागणें व्हडल्यान करतात.

# ३४ देवाच्यो धा आज्ञा आमी कशे परीं जिवंक जाय तें शिकयतात

(सुटका, २० वो आवेसोर)

आमी देवाचो मोग करप, हे विशीं पयल्यो चार आज्ञा

१. "म्हजे भायर आनीक देव तुका आसूं न्हय."

२. "तुजे खातीर कोरांतून कसलीच प्रतिमा (मुर्ती) वा कित्याचेंच चित्र करूं न्हय...; तांकां भोजूं न्हय, ना म्हूण तांची सेवा करूं न्हय."

३. "तुज्या परमेशवर देवाचें नांव *व्यर्थान उचारूं न्हय."

४. "*साब्बाथ दिस तुवें पवित्र दवरचो."

शेवटचे स, आमी मनशांचो मोग करप हे विशीं आसात

*व्यर्थान : In vain (फाव नासताना) बेमानान

*साब्बाथ दिस : देवान नेमलेलो विसवाचो दिस (सातोळ्याचो सातवो दिस)-

५. "तुज्या आवय-बापायक मान दी."

६. "तुवें जिवेशीं मारूं न्हय."

७. "तुवें प्रोढवार करूं न्हय." (प्रोढवार म्हणगे पती वा पतीन अेकामेकाक लग्न संबंथीं विस्वाशी ना रावप.)

८. "तुवें चोरू न्हय."

९. "तुज्या पेल्या आड तुवें लटीक गवाय दिवं न्हय."

१० "तुज्या पेल्याचे कसलेच वस्तुची आशा... तुवें करू न्हय."

**देवाच्यो आज्ञा सांबाळल्यार आमकां आमच्या मागण्यांक जाप मेळटा**

"आमी ताच्यो आज्ञा सांबाळतात आनी ताका मानवता तेंच करतात देखून आमी ताचे लागीं मागतात तितलेंय आमकां ताचे लागच्यान मेळटा."

– १ जुआंव ३:२२

# दोन श्रेष्ठ आज्ञा

## देवाचो मोग करप

१. "जेझून ताका म्हळें,' "सगळ्या तुज्या काळजान, सगळ्या तुज्या जिवान (प्राणान), आनी सगळ्या तुज्या मनान, तुज्या परमेश्वर देवाचो तुवें मोग करचो."ही पयली आनी श्रेष्ठ आज्ञा.' "

- मातेव २२:३७,३८

## मनशांचो मोग करप

२. "आनी दुसरी ताचेच परी आसा: 'तूं तुजो मोग करता तसोच तुवें तुज्या पेल्याचो करचो.' " - मातेव २२:३९

सगळयो धा आज्ञा (पान ३४ आनी ३५)
हया दोन श्रेष्ठ आज्ञांचेर थारलेल्यो आसात.

वरतो “मोगाचो आवेसोर” (१ कोरिंतकारांक १३: १-८,१३)

[1] हांव मनशांच्यो आनी देवदुतांच्यो भासो उलयन, पूण म्हाका मोग
ना जाल्यार हांव अेके वाजते पितळी वा अेके वाजत्या कानसाळ्या
सारको जालां. [2] आनी जर म्हाका भाकित करपाचें देणें आसां,
आनी सगळे गूट आनी सगळी जाणवाय हांव समजतां (आठापतां)
आनी म्हाका सगळो भावार्थ आसा जाचे वरवीं हांव दोंगर काडून
उडोवंक शकतां, पुण म्हाका मोग ना जाल्यार हांव कांयच न्हय. [3]
आनी जर हांव म्हज्यो सगळ्यो वस्तू काडून दुबळ्यांक दीन, आनी
म्हजी कूड लासूंक दीन पूण मोग ना जाल्यार म्हाका कांयच
आदावाचें न्हय. [4] मोग सगळें सोसता, आनी मोग दयाळ; मोग
नाटकाय करिना; मोग वडाय दाखयना, गर्वान फुलोना; [5] अपमानान

वागयनां, आपलेंच सोदीना, चाळवना, कांयच वायट चितना; [6]
वायटान संतोसभरीत जायना, पूण सता थांय संतोसता; [7] सगळो भार
घेता, सगळें सत-मानता, सगळ्याची अपेक्षा करता, सगळें सोसून
घेता. [8] मोग केदींच हारनां. पूण जंय भाकण्यो आसात त्यो
सरतेल्यो; आथव्यो भासो आसात त्यो सरतेल्यो; गिन्यान आसा तें
नपयत जातलें.
[13] आनी आतां हीं तीन वसतात: भावार्थ, भरवांसो, मोग; पूण
हांतलो श्रेष्ठ म्हळ्यार मोग.

## देव म्हळ्यार मोग

"..... देव वरतता मोग, आनी जो मोगान जियेता, तो देवा थांय
जियेता, आनी देव ताचे थांय." - १ जुआंव ४:१६

# हेरांक तुवें गवाय दिल्ली जेझूक जाय



(घरांत, शाळेंत, पवित्र सभेंत, सगळे सुवातेर)



जेझून म्हळें, "तुज्या घरा वच, तुज्या अिप्टांशीं वचून परमेश्वरान तुजे सरीं कसलीं श्रेष्ठ करतुत्वां केल्यांत, आनी तुजी कशे परीं दया केल्या ते विषीं तांकां सांग."

- मार्क ५:१९

## ४० देवाच्या अेका निज भुरग्याक कसो वळखूंचो

"त्या पासत तांच्या फळां वरवीं तुमी तांकां वळखतले." -मातेव ७:२०

"पूण आत्म्याचें फळ वरतता मोग, संतोश, शांती, सोसणिकाय, दया-माया, बरेपण, विस्वासीपण, दुलबाय, आप-नियंत्रण...."

- गालासियेकारांक ५:२२,२३

### देवाचो निज भुरगो आपल्या पेल्याक भगशीता

"तूं जर मनशांच्यो चुकी भगशिता, तुजो सर्गिचो बाप तुकाय भगशीतलो."

- मातेव ६:१४

### सात अगुण जांचो देव व्देस करता

"अेक गर्विश्ट नदर, फट विणटली जीब, निरअपराध्यांचें रगत वारयतले हात, अदृश्ट मांडण्यो येवजिता तें काळीज, खटेपण करूंक सुडसुडीत आसलेले पांय, फट उलयता तसलो लटीक गवाय, आनी भावां-भयणीं मदें दुसंगां उपजयतलो मनीस."

- म्हणण्यो (ओपारी) ६:१७–१९

## आत्म्याचें फळ

## कुडीच्यो करण्यो



## पातकी सैमाच्यो करण्योः 

"…. प्रौढवार, आंकवारां मदें वसतलें लिंगी एजडपण, कुडयां-देवांची(मुर्ति) पुजा, घाडीपण, व्देस….कोध,झगडें…, कुन्नाटकाय, खून करप, वेबदिकाय,…आनी असले अगुणः …असलें करतात तांका देवाच्या राज्यांत दायज मेळचेंना"

- गालासियेकारांक ५:१९-२१ (KJV)


"…न्हय म्हूण समलैंगिक संबंध दवरतले,… न्हय म्हूण नागवणे, ना म्हूण आशा दवरतले…."

-१कोरिंतकारांक ६:९-१०

## जेझून तूका आपल्या आत्म्यान भरून तूका नितळ करुंदी

"आनी असले तुमी काय जाण आसले. पूण आमच्या धनी जेझू किस्ताच्या नांवांत आनी आमच्या देवाच्या आत्म्या वरवीं तुमकां धुल्यात … नितळ केल्यात …आनी संवस्कारल्यात (पवित्र केल्यात)…" -१कोरिंतकारांक ६:११

# यमकोंड अेक खरी सुवात



(लुकास १६:१९-२६ वाच)

तूं जेझू क्रिस्ताचेर विस्वास दवरता हाची खातरी कर. तो आपल्या जिविता-पुस्तकार तुजें नांव बरयतलो.

"आनी जाचें नांव जिवीता -पुस्तकार मेळ्ळेंना ताका उज्याच्या कोंडांत उडयलो."

- प्रकासणी २०:१५

"......... देवान आमकां सासणीक जिवीत दिलां, आनी हें जिवीत ताच्या पुता सवें आसां." - १ जुआंव ५:११

"कित्याक पातकाची मजुरी मरण, पूण देवाचें देणें वरवतः आमच्या जेझू किस्ता थांय सासणीक जिवीत." - रोमकारांक ६:२३

"जो पुताचेर भावार्थ दवरता ताका सासणीक जिवीत आसां; आनी जो पुताचेर भावार्थ दवरना तो जिवीत देखचोना, पुण देवाचो कोध ताचेर वसता." - जुआंव ३:३६

"जेझून ताका म्हळें, 'वाट, सत, आनी जिवीत हांवूच. कोणूच बापाशीं पावनां बगर म्हजेच वरवीं.'" - जुआंव १४:६

# सर्ग अेक खरी सुवात



प्रकासणी २१ व्या आवेसोरान जुआंवान आपल्या दर्शनांत अेक नवो सर्ग आनी नवी प्रिथुम पळेली. "'आनी तांच्या दोळ्यांतलें दर एक दुक देव पुसतलो; मरण, खंत, रडणें; आनी दुख आनीक थंय आसचीनांत, कित्याक आदलें सगळें नपयत जालें'. उपरांत शिंवासनार बसून आसलो ताणे म्हळें, 'पळे हांव सगळें नवें करतां.'..."

-प्रकासणी २१:४,५

सगीर थावन देवा लागच्यान सकयल देंवता तें पवित्र शार, नवें जेरूसलेम, जुआंवान पळेलें. "..तें शार निवळ कांचे परी अस्सल, निर्मळ भांगाराचें आसलें. आनी शाराच्या पा-याच्यो बुनयादी सगळ्या जिनसाच्या माणकां- मोत्यांनी नेटयल्ल्यो..."

- प्रकासणी २१:१८,१९

## जेझूचेर भावार्थ दवरतल्यां खातीर तो घर तयार करूंक गेला.



"तुमचें काळीज अस्वस्त जांव न्हय; तुमी देवाचेर भावार्थ दवरला, म्हजेरूय भावार्थ दवरात. म्हज्या बापाच्या घरांत दबाज्यान नेटयल्ल्यो साबार सुवातो आसात; अशें नासलें जाल्यार हांव तुमकां सांगतलो आसलों. तुमचे खातीर सुवात तयार करूंक हांव वेतां. आनी जर हांव वचुन तुमचे पासत सुवात तयार करीन जाल्यार हांव परत येवन तुमकां म्हजेशीं घेतलों; की अशें जंय हांव आसां थंय तुमीय आसच्याक." - जुआंव १४:१-३

## ही बरी खबर दुस-यांक कळय

जेझून म्हळें, "सगळ्या संवसारांत वचात आनी शुभवर्तमान मनशांक पर्गटात." - मार्क : १६:१५

".....जो आत्मे जिकता तो मनीस शाणो." -म्हणण्यो(ओपारी) ११:३०

"…. हांव तुमकां केदिंच सोडचोना, नां म्हूण सांडचोनां." - हेब्रेवांक १३:५

"सगळया तुज्या वाटानीं तुका राखूंक तुजे वयर तो आपल्या दुतांक हवालो दितलो." -स्तोत्र ९१:११

"….. म्हज्या बापाच्या हातांतलीं तांका कोणूच कांडूक शकना." - जुआंव १०:२९



"……..हांव तुजे बरोबर सदांच आसां, काळाचो शेवट पर्यान." - मातेव २८ :२०

"तुजेर आटे-विटे येवंचे आसात त्या विशीं तूं भिंयू नाका… मरणाची घडी पर्यान विस्वासी राव, आनी हांव तुका जिवीताचो मुकूट दितलों."-प्रकासणी २:१०

"हांव काळखांत बसून आसतां तेन्ना परमेश्वर म्हजो उजवाड जावन आसतलो."- मिकेयास ७:८

"म्हाका उलो मार आनी हांव तुका जाप दितलों….." -जेरेमियास ३३:३

सगळे मेल्ल्यांतले जिवंत जातले.

"....... असलो वेळ येता जेन्ना समाधिंनीं आसात तीं सगळीं ताचो ताळो आयकतलीं आनी भायर सरतलीं - जाणें बरें केलां तीं जिवीताचें पुनर्जिवंतपण भगूंक आनी वायट केलां तीं निसणटणाचें जिवीत भगूंक." - जुआंव ५:२८,२९



क्रिस्ताच्या ऐकवटांत मेल्यांत तीं पयलीं जिवंत जातलीं.

"तेन्ना आमी जिवीं उरलेलीं क्रिस्ताक मेळच्या खातीर ताचे बरोबर अंतराळार कुपांनी ऐकटवतलीं आनी अशें आमी सदांकाळ धनया बरोबर आसतलीं." - १ तेसालोनीकारांक ४:१७

"....... जागरूत रावात आनी प्रार्थना करात; कित्याक हो वेळ केन्ना येत तो तूमी नकळत." -मार्क: १३:३३

# जेझू कसो येतलो?



"हो पळेयात, कुपां बरोबर तो येता, आनी दर अेकलो ताका पळेतलो..." -प्रकासणी १:७

फटकीरे किस्त आनी फटकी-यां भाकणारां विशीं चतूर रावात.

"...'पळेयात, क्रिस्त हांगा आसा वा थंय आसा!' म्हूण कोणूय तुमकां सांगीत जाल्यार तुमी तें सतमानूं नाकात... 'पळेयात तो अरण्यांत आसा!' अशें ते तुमकां म्हणत जाल्यार तुमी भायर सरूं नाकात; वा 'पळेयात,तो भितरल्या कुडांत आसा,' म्हूण सांगल्यार तें तुमी सतमानूं नाकात." - मातेव २४:२३,२६

जेझू सर्गिच्या कुपानी वेगिंच येतलो

"कित्याक जशें जग्लावणें उदेंत थावन असतंतेक मारता तशेंच मनशाच्या पुताचें येणें जातलें...संवसारांतलीं सगळीं कुळां.....मळबाच्या कुपांचेर पदवेन आनी वरत्या दबाज्यान येवल्या मनशाच्या पुताक देखतलीं...." -मातेव २४:२७,३०

# गंवळ्याचें स्तोत्र

(स्तोत्र २३)

१ परमेश्वर म्हजो गंवळी; म्हाका कांयच उणें आसचेना. २ पाचवो
चरव मेळता थंय तो म्हाका आड पडूंक दिता; शांत उदकां सरी तो
म्हाका व्हरता. ३ म्हजो जिव तो नवसरायता; आपल्या नांवां पासत तो
म्हाका प्रमाणिकपणाच्या मार्गान चलयता. ४ हय, मरणाची सावळी
पडलेले *घळींत लेगून हांव चल्यार कसल्याच वायटाक हांव
भियेंवचोना; कित्याक तूं म्हजे बरोबर आसा; तूझो दांडो आनी तुजें
कोर्के म्हाका भुजवण दितात. ५ म्हज्या दूसमानां हुजीर तूं म्हाका
कडलें जेवण मांडताय; तूं म्हजी तकली तेलान माखताय; म्हजें पात्र
उपट भरून ओत्ता. ६ निश्चीत सगळया म्हज्या जिवीतांत तुजी
दया-माया म्हजे सरी आसतलीच; आनी परमेश्वराच्या घरांत हांव
सदांकाळ वसती करतलों.